**panaji national 29 November 2025 at 8.40 am**

मुखेल खबरो

- ब्रह्म कुमारींच्या वर्सुकी ‘मेडिटेशन फॉर ग्लोबल युनिटी अँड ट्रस्ट’ ह्या कार्यावळीच्या उक्तावणराष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी केले
- गोकर्ण परतागली जीवोत्म मठ ही संस्था लोकांक दिका दिवपाचें केंद्र म्हणून उदेल्या अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज आणि फाल्या जावपी dgp igp परिषदेच्या अध्यक्षस्थानार आसतले
- बॅडमिंटनांत लखनौ शारांत जाल्ल्या सैयद मोदी आंतरराष्ट्रीय बॅडमिंटन सर्तीच्या सेमी फायनलींत भारतीय शटलर तनवी शर्मान  प्रवेश केलो

आता पुराय खबरो

राष्ट्रपती ५०

समाजाक चड समावेशी, शांत, भलायकेन भरिल्लो आनी मुल्यांचेर आदारिल्लो करपा खातीर भारत सरकार जायतीं पावलां उबारता अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलें. ब्रह्म कुमारींच्या वर्सुकी ‘मेडिटेशन फॉर ग्लोबल युनिटी अँड ट्रस्ट’ ह्या कार्यावळीच्या उक्तावण सुवाळ्यांत ती उलयताली. उपरांत ताणी लखनौ हांगा जाल्ल्या भारत स्काऊट आनी गाईड्सच्या हीरक महोत्सवी समारोप सुवाळ्यात वाटो घेतलो. **byte**

**पर्त्गाल 100**

गोकर्ण परतागाळी जीवोत्त्म मठाच्या स्थापनेच्या 550व्या वर्साच्या निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी प्रभु श्री राम हांच्या सत्यात्तर फूट उंचायेच्या कांस्य पुतळ्याचें अनावरण केलें. तशेंच नव्या रामायण थीम पार्क गार्डनाचें उक्तावण आनी ह्या उत्सवाचो एक भाग म्हूण विकसीत केल्ल्या भगवान रामाक समर्पीत केल्लें धा हजार चौखण फूटांचें संग्रहालयाचे उक्तावण केलें. ही संस्था लोकांक दिका दिवपाचें केंद्र म्हणून उदेल्या. लोकांच्या एकचारांत विकसीत भारताचो मार्ग आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणले . फुडल्या पिळग्यांक प्रेरणा दिवपी मुल्यां तिगोवन दवरपाचो बुन्याद फातर हि संस्था. हे संस्थेन फकत श्रद्धेचीच न्हय, तर मनीसपणाची आनी संस्कृतायेची राखण केल्या अशें मोदी हांणी सांगले.**BYTE PM**

हे वेलार गोयचे मुखेल्मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणीय आपले विचार उक्ताय्ले **BYTE CM**

**इफफी** **NSD 230**

भारताच्या शाप्प्नाव्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाचो समारोप काल जाल्या भव्य पुरस्कार सुवाळ्यान जालो, तातूंत चित्रपटसृष्टीतल्या प्रतिभेचो भोवमान जालो. ashley मेफेयर हानी दिग्दर्शीत केल्ल्या व्हिएतनामी फिल्म ‘स्किन ऑफ युथ’ ह्या चित्रपटाक उत्कृश्ट फिचर फिल्माचो प्रतिश्ठीत गोल्डन peacock पुरस्कार फावो जालो. सिल्वर पीकॉक विभागांत ‘गोंधळ’ ह्या मराठी फिल्मा खातीर संतोष दावखर हांका उत्कृश्ट दिग्दर्शकाचो पुरस्कार फावो जालो. स्पॅनिश फिल्म ‘अ पोयट’ खातीर उबेमार रिओस हाका उत्कृश्ट अभिनेता पुरस्कार फावो जालो, जाल्यार स्लोवेनियाच्या ‘लिटल ट्रबल गर्ल्स’ ह्या सिनेमांतल्या अभिनया खातीर झारा सोफीजा ओस्ताना/क उत्कृश्ट अभिनेत्रीचो पुरस्कार फावो जालो. इराणी फिल्म निर्मातो हेसम फराहमंद आनी एस्टोनियाचो दिग्दर्शक टोनिस पिल हांकां एक दिग्दर्शकाच्या उत्कृश्ट पदार/पणाच्या फिचर फिल्माचो संयुक्तपणान पुरस्कार फावो जालो. करण सिंग त्यागीक केसरी चॅप्टर टू खातीर भारतीय फिचर फिल्माचो

उत्कृश्ट पदार्पण दिग्दर्शक फावो जालो.बेस्ट वेब सिरिज (ओटीटी) पुरस्कार बंदिश डाकू सीझन टूक  दिलो. एक खाशेली गजाल म्हळ्यार भारतीय सिनेमांत 50 वर्सां पुराय केल्ल्या खातीर दिग्गज अभिनेतो रजनीकांत हांचो सत्कार केलो. "हो मान पुराय सिनेमा उद्देगाचो. शंबर फावटीं जल्मल्लो तरी म्हाका रजनीकांत म्हणून जल्म घेवपाक जाय, कारण म्हाका फिल्म आनी अभिनय आवडता अशे तानी आपले मनोगत उक्ताय्ले.मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी महोत्सवाच्या समारोप सुवाळ्यांच्या  कार्यावळीत उलयतना सांगलें कि  फाटल्या कांय दिसांनी इफ्फीची ही आवृत्ती संवसारीक सहकार्यात  सृजनशील मन, कला आनी प्रतिभेचो उल्लेखनीय मेळाव्याचे संयोजन आसा. विचार आनी संस्कृतायेचो असामान्य संगम गोंयान पळयलो अशे तानी म्हणले . इफ्फी जागतिक सर्जनशील केंद्र म्हणून भारताचे स्थान मजबूत करता. कथाकथनात नावीन्य आणि परंपरा दोनुय  मनयता अशें फिल्म निर्मातो शेखर कपूर हांणी म्हणले.

सीआर पाटील 40

जल जीवन मोहिमेवरवी देशभरांतल्या 15 कोटी गांवगिऱ्या घरांक उदकाची जोडणी मेळ्ळ्या अशि म्हायती जल शक्ति मंत्री सीआर पाटील हांणी दिली. नवी दिल्लींत सुजा/लम भारत शिखर सभेक संबोधीत करतना ताणी दरेका नागरिकाक उदकाची टिकावू सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर सरकाराची वचनबद्धताय परत उक्तायली. **byte**

शहा 90

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हानी छत्तीसगडात रायपूर हांगा साठांव्या  अखिल भारतीय पोलीस महासंचालक आणि पोलीस महानिरीक्षक (DGP-IGP) परिषदेचे उक्तावण केले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या  फुडारपणाखाला, देशातली अंतर्गत सुरक्षा आव्हानां सोडोवंक, समस्या आणि आव्हानां वळखुपा पासून ते धोरणां तयार करपा मेरेन, DGP/IGP परिषद एक प्रमुख माची म्हण उदेल्या अशे तांणी म्हळे.

नक्षलवादाबद्दल उलयताना फाटल्या सात वर्षांत, केंद्र सरकारन पांचशे श्यायशी मजबूत पोलिस ठाणी बांधून सुरक्षा ग्रिड मजबूत केल्या. परिणामी, नक्षलग्रस्त जिल्हयांची संख्या २०१४तल्या १२६ वेल्यान आज फक्त ११ चेर पावल्या, अशे ताणी म्हणले. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज आणि फाल्या जावपी परिषदेच्या वेगवेगळ्या सत्रांचे अध्यक्षस्थानार आसतले

**announcement** 40

भारताची भौशीक सेवा प्रसारक, प्रसार भारतीन दूरदर्शन आनी आकाशवाणीच्या आरएनयू फाट्यात पूर्णवेळ कंत्राटी पद्दतीन कॉपी एडिटर पदाखातीर अर्ज मागयल्या. 2 दूरदर्शन आनी 1 आकाशवाणी खातीर ही पदां एक वर्सा खातीर आसतलीं, इत्सूक उमेदवारांनी 3 डिसेंबर पयलीं avedan.prasarbharati.org वरवीं ऑनलायन अर्ज करचो.

IMD 20

भारतीय हवामान खात्यान तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल आंध्र प्रदेशात, केरळ, माहे आनी दक्षिण अंतर्गत कर्नाटकात व्हड ते दडकानी पावस पडपाचो अदमास काडला.

SPORTS ३०

बॅडमिंटनांत लखनौ शारांत जाल्ल्या सैयद मोदी आंतरराष्ट्रीय बॅडमिंटन सर्तीच्या सेमी फायनलींत भारतीय शटलर तनवी शर्मान प्रवेश केलो. 16 वर्सां पिरायेच्या तनवी शर्मान क्वार्टर फायनलींत होंग कोंगच्या सिन यान हॅपी लो हांकां 21-13, 21-19 अशा सेटांनी हारयले.

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- ब्रह्म कुमारींच्या वर्सुकी 'मेडिटेशन फॉर ग्लोबल युनिटी अँड ट्रस्ट' ह्या कार्यावळीच्या उक्तावणराष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी केले

- गोकर्ण परतागली जीवोत्तम मठ ही संस्था लोकांक दिका दिवपाचें केंद्र म्हणून उदेल्या अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला

- • प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज आणि फाल्या जावपी dgp igp परिषदेच्या अध्यक्षस्थानार आसतले

- बॅडमिंटनांत लखनौ शारांत जाल्ल्या सैयद मोदी आंतरराष्ट्रीय बॅडमिंटन सर्तीच्या सेमी फायनलींत भारतीय शटलर तनवी शर्मान  प्रवेश केलो

आणि इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरपत्र तुमका aaykunk मेळतले सांजेच्या स वरा तीस मिणतानचेर नमस्कार